**19 डिसेंबर 2023- गोंय मुक्ती दिसा निमतान गोंयचे मानादीक राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांचो संदेश**

म्हजे प्रिय नागरीक

गोंय मुक्ती दिसाच्या निमतान सगळ्या गोंयकारांक मना-काळजांतल्यान हांव परबीं आनी शुभेच्छा भेटयता.

62 वर्सां पयलीं आयच्या दिसा गोंयच्या लोकांनी अतूट धाडसान आनी निश्ठेन स्वातंत्र्य मेळोवन शेंकड्यांनी वर्सांच्या पुर्तुगेज वर्चस्वाचो शेवट केलो.गोंयकाराच्या उमेदिचो हो दीस.

15 ऑगस्ट 1947 हे दिसा भारताक स्वातंत्र्य मेळ्ळें, पूण गोंय 450 वर्सांच्या पुर्तुगेज राजवटींत आशिल्ले. पुर्तुगेज भारताच्या कांय वाठारांनी वसाहत करपी पयलें लोक आशिल्ले आनी भारताच्या स्वातंत्र्या उपरांत लेगीत तांच्यानी गोंय आनी हेर भारतीय प्रदेशांचेर आपलो शेक सोडपाक न्हयकार दिलो. सत्याग्रही, पत्रकार आनी दिग्गज कलाकार लेगीत गोंयच्या स्वातंत्र्या खातीर झुजलें. गोंय मुक्तीच्या उदात्त कार्या खातीर तांच्यांनी दुख सोसलें आनी आपल्या मोलादीक जिविताची आहुती दिली. ते उपरांत एकचार आनी विविधतायेच्या भावनांनी फुलपी भुयेक गोंयची मुक्ती हो पुनर्जल्माचो खीण आशिल्लो. आमच्या म्हान सुटके झुजाऱ्यांनी केल्ले सगळे यत्न आनी तांचे संघर्श आनी त्याग तशेंच लश्कराच्या कठोर परिश्रमाची याद करपाची आनी तांचे उपकार मानपाचो हो योग्य प्रसंग आसा. गोंयच्या स्वातंत्र्या खातीर जांणी आपलो मोलादीक जीव दिल्या तांका सगळ्यांक आमी आर्गां ओंपतात.

फाटल्या कांय वर्सांत, गोंयान सामाजीक-अर्थीक रचणुकेंत म्हत्वाचें योगदान दिलां आनी एक सक्रीय आनी प्रगतीशील राज्य म्हूण नावारुपाक आयला. गोंयच्या लोकांची लवचीकताय आनी कठोर परिश्रमान आव्हानांचें संदींत रुपांतर केला आनी ते विकास आनी समृद्धीचें एक उज्ज्वल देख थारल्या.

पर्यटन क्षेत्र हो गोंयच्या अर्थवेवस्थेच्या मुखेल घटकां मदलो एक आसा. गोंय हें पर्यटन स्थळ म्हूण संवसारभर फामाद आसा. गोंयांत गिरेस्त वनस्पत आनी मनजात आसा. तशेंच, राज्याक समृद्ध संस्कृतायेचे दायज आसा. शिवाय, गोंयचे लोक इश्टागत आनी शांतीप्रिय आसात. गोंयांत वेगवेगळे समाज पुराय एकचारान रावतात. ते खातीर गोंयच्या विलक्षण सोबीतकायेक लागून हें संवसारीक नामनेचें पर्यटन स्थळ जालां.

गोंयचे तरणाटे आनी उत्साही मानादीक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणा खाला सरकारान साधन- सुविधां अद्ययावत करून राज्याच्या उदरगती खातीर उर्बेभरीत वावर

केला आनी अभियांत्रिकी चमत्काराचो हो पराक्रम आतां रस्ते, रेल्वे, विमानतळ आनी पूल ह्या रुपान आमच्या राज्याच्या मुखेल कर्तुबांतूय उंचेल्या पांवड्यार आसा. आयज गोंय राज्यांत दोन विमानतळ कार्यरत आसात हें हांव उजवाडाक हाडपाक सोदतां. पयलो म्हणल्यार दाबोळीचो दाबोळी विमानतळ आनी दुसरो मोपाचो नवो "मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळ" जो आधुनीक सुविधा/तंत्रगिन्याना सयत शाश्वत साधनसुविधांच्या विशयाचेर बांदला.

आनीक एक व्हडली कामगिरी म्हणल्यार 8 लेन केबलाचो, दरेक वटेन 4 लेन आशिल्लो नवो जुंवारी पूल. हाका लागून वाहनांक काणकोण ते पणजी आनी ताचे उरफाटें हें अंतर उण्या वेळांत पुराय जाता. तशेंच, नवो जुवारी पुलाचो उरिल्लो भाग आतां नेमान येरादारी खातीर रोखडोच उक्तो करतले आनी येरादारी कोंडीचेर कायमस्वरुपी थाकाय मेळटली.

गोंय राज्य पिवपाच्या उदकाच्या पुरवणे खातीर आदर्श राज्य थारलां आनी तें तिगोवन दवरपा खातीर स्मार्ट युटिलिटी स्टेट जावपा खातीर जायते उपक्रम हातांत घेतल्यात.

गोंय राज्याक एफएसएसएआयच्या 'राज्य अन्न सुरक्षा निर्देशांक' त लघू राज्य श्रेणी अंतर्गत सलग 5व्या वर्सा पयली सुवात फावो थारल्यात.

गोंय राज्य आयज सगळ्या क्षेत्रांत मुखार आनी सर्वोत्कृश्ट कामगिरी करपी राज्य थारलां आनी राज्याच्या सर्वांगीण विकासा खातीर सरकार सदांच कटिबद्ध आसा आनी रोखडेंच आमच्या सुंदर राज्यान "स्मार्ट स्टेट" जावपी देशांतल्या कांय मोजक्या राज्यां मदले एक जावपाचो मान मेळयतना आमकां दिश्टी पडटलें.

गोंय राज्यांत जायत्यो प्रतिश्ठीत जी-20 बसका जाल्यो. बसकेंत विंगड विंगड विशयांचो आसपाव आशिल्लो आनी दरेक बसका बरे तरेन संघटीत आनी दरेका आंगान येसस्वी जाली.

गोंय हें एकमेव राज्य आसा जंय एक आदर्श प्राथमीक भलायकी केंद्र (आयुष्मान भारत डिजिटल मिशन अनुपालन) पुरायपणान डिजिटल आसा आनी दुयेंती नोंदणी ते वखदां दिवपा मेरेन एंड-टू-एंड पेपरलेस प्रक्रिया आसा आनी भौशीक भलायकी सुविधा नोंदणींत चडावत सॅच्युरेशन खातीर टॉप परफॉर्मिंग राज्या खातीर "आयुष्यमान उत्कृश्ट पुरस्कार 2022" लेगीत मेळ्ळा. तशेंच "100 मायक्रोसायट प्रकल्प" अंतर्गत मायक्रोसायट सुरू करपा खातीर सुरवेक अडोप्टर राज्य आशिल्ल्यान राष्ट्रीय भलायकी प्राधिकारिणीन गोंय राज्याची तोखणाय केल्या. डिसेंबर 2020 सावन सगळ्या संभाव्य टीबी दुयेंती खातीर अपफ्रंट मॉलिक्युलर टेस्टींग (एनएएटी) करपी गोंय हें देशांतलें पयलें राज्य थारलें.

26 ऑक्टोबर ते 09 नोव्हेंबर 2023 मेरेन राज्यांत 37वे राष्ट्रीय खेळ 2023 येसस्वीपणान आयोजीत केल्ले. खेळां सर्तीच्या इतिहासांत पयलेच खेपे गोंयान विक्रमी 27 भांगर पदकां, 27 रुप्या पदकां आनी 38 कांस्या पदकां जिखून पदकांच्या क्रमवारींत 9वी सुवात मेळयली.

गोंयच्या वंचीत लोकांक मजत करपा खातीर हांवें म्हज्या विवेकाधीन निधींतल्यान अर्थीक मजतीच्यो वेगवेगळ्यो येवजण्यो जाहीर केल्यो आनी ह्या येवजण्यांचो एक भाग म्हूण हांवें जायत्या एनजीओंक भेट दिवन ह्या संस्थांक वैयक्तीक रितीन अर्थीक मजत दिली. "गोंय ग्राम संपूर्ण यात्रा" वेळार हांवें गोंयच्या गांवांची भोंवडी केली आनी म्हज्या विवेकाधीन निधींतल्यान डायलिसिस/कॅन्सर/हेर दुयेंतींक अर्थीक मजत दिली. तशेंच, गरजू डायलिसिस/कॅन्सर/हेर दुयेंतींक अर्थीक मजत चालू आसतना, वेगवेगळ्या प्रसंगांनी, हांवें म्हज्या विवेकाधीन निधींतल्यान डायलिसिस/कॅन्सर/हेर दुयेंतींक अर्थीक मजत दिली हें सांगपाक म्हाका खोस भोगता.

फुडें, अप्रकाशीत पुस्तक उजवाडाक हाडपाची इत्सा आशिल्ल्या तरणाट्या नवोदीत लेखकांक मजत/प्रोत्साहन दिवपाक हांवें मे 2023 त "नई पहल" ही पुस्तक उजवाडा येवजण सुरू केली आनी हे येवजणे प्रमाणें हांवें तरणाट्या लेखकांची 12 पुस्तकां उजवाडाक हाडपाक मजत केली.

राजभवनांत भेट दिवप्यांक पर्यटकांक आकर्शीत करपी नवे यत्न वाडोवपाचे नदरेंतल्यान राजभवनान आपलें ध्येय हातांत घेतलें आनी ताका लागून वेगवेगळ्या सुवातींनी राजभवनांतल्या परीसरांत ऑर्किड पॉली हावस, जॅक फ्रूट गार्डन, वामन वृक्ष कला उद्यान, औषधी वाटिका, रक्त चंदन उद्यान (तांबडी चंदन बाग) आनी हेर विंगड विंगड बागायती सुरू केल्यात.

"वामन वृक्ष कला" हाका "बोनसाय" अशेंय म्हणटात. ही मुळांत एक भारतीय कला आसून भारतीय अवतारांत तिचें पुनरुज्जीवन आनी प्रसार करपाची गरज आसा. तशेंच राजभवनान "श्वेतकपिला" ह्या नांवान वळखतात त्या देशी थळाव्या गोरवांची राखण, आश्रय आनी प्रचार करपा खातीर "गौशाळा" सुरू केल्या.

ह्या संस्मरणीय सुवाळ्या निमतान आमी सगळ्यांनी सगळ्या हुतात्म्याचे, सुटके झुजाऱ्यांक  नमन करुया. ह्या म्हान आत्म्यांच्या बलिदानाक लागून गोंय आयज समृद्ध राज्य म्हूण उंचायेर पावलां.

**जय हिंद**

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.